Panaji

23/04/2026 राष्ट्रीय खबरो 6.30 PM

अस्तंत बंगालांत दुसऱ्या टप्प्याचे विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचार सुरू आसा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी कृष्णनगरांत रॅलीक संबोधीत करून राज्यांत राजकी बदल अपरिहार्य आसा अशें सांगला. अस्तंत बंगालांतलें टीएमसी सरकार बेकायदेशीर घुसखोरीक प्रोत्साहन दिता असो आरोप प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केला. संसदेंत आरक्षण विधेयक आडायल्ल्यान तृणमूल काँग्रेसीचेरूय ताणी टिका केली. सबका साथ, सबका विकासाची दृश्टी घेवन आपलें सरकार मुखार वता. फाटल्या 50 वर्सांत पयले फावट हि वेंचणूक जातली जातूंत हिंसाचाराचे प्रमाण उणे जाल्ले दिसता. शांततायेन मतदानाची खात्री करप हें वेंचणूक आयोगाचें म्हत्वाचें काम अशें धानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें.
राज्यांत भाजपा सरकार तयार जातकच सीएए खाला नागरीकत्व दिवपाची प्रक्रिया नेटान जातली अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी फुडे म्हणला.

अस्तंत आशियांतल्या संकश्टाच्या फाटभुयेर नागरिकांक कसलीच असुविधा जावची न्हय हे खातीर सरकारान जतनाय घेता. देशभरांत  एलपीजीची पुरवण पुरायपणान चालू आसा  अशे नवी दिल्लींत जाल्ले आंतर मंत्रालयीन बसकेंत उलयतना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाची सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें.

सुमार 94 टक्के गॅस वितरण प्रक्रिया ‘डिलिव्हरी ऑथेंटिकेशन कोड’ वापरून पुराय जाता असो अशे ताणी म्हणला. सध्या वेपारी एलपीजीची पुरवण सुमार 70 टक्के आसा आनी एप्रील म्हयन्यांत आतां मेरेन 1पूज्य 40 लाख टन परस चड वेपारी एलपीजी विकल्यात अशें सुजाता शर्मा हांणीफुडे म्हणला.

जग हे गुंतागुंतीच्या भू राजकीय आव्हानाक फुडो करीत आसतांना भारत आफ्रिका या दोन्ही देशांच्या भागीदारिक महत्त्व आयला अशे विदेश व्यवहार मंत्री एस. जयशंकर हाणी म्हणला. आयज भारताच्या परराष्ट्र धोरणात आफ्रिकेक मध्यवर्ती सुवात आसा आणि भारतान हालीसराक आफ्रीकेल्लो  आपलो राजनैतीक प्रभाव वाडीक लायला अशे विदेश व्यवहार मंत्री एस. जयशंकर हाणी मुखार म्हणला.

२८ ते ३१ मे मजगती जावपी भारत आफ्रिका फोरम शिखर परीशदेचो लोगो, संकल्पना आणि संकेतस्थळाचे उक्तावण केल्या उपरांत विदेश व्यवहार मंत्री एस. जयशंकर उलाय्ताले. ताणी मुखार म्हणला

नवी दिल्लींत शिखर परिषदेच्या उक्तावण सुवाळ्यांत एस. जयशंकर हाणी मार्गदर्शन करताना पुराय खंडांत सतरा नवे राजनैतिक दुतावास उक्ते केल्यांत तेवव्वीं आंतां संबंधित दुतावासांचो आकडो शेचाळीस जालो अशे सांगले. हातुल्ल्यान खंडातल्या दर एक प्रदेशाकडेन जोडून रावपाची भारताची दीर्घकालीन वचन बद्ध्ताय दिसून येता, तशेच भारतान जागतिक प्रशासनात आफ्रिकेक सातत्यान फाटबळ दिला अशे ताणी मुखार उलायताना सांगले.

आयपीएल क्रिकेटांत आयज सांजवेळार मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमाचेर मुंबय इंडियन्स आनी चेन्नई सुपर किंग्स हांचे मदीं सामनो जातलो. सांजवेळा 7.30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

भारतिय हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत दिल्ली, छत्तीसगढ, हरियाणा, चंडीगढ, मध्य प्रदेश, पंजाब, राजस्थान, उत्तर प्रदेश आनी विदर्भान उश्णताय ल्हारांचो अदमास उक्तायला. मजगतीं, अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालयाचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.